# <u>सर्गेस्त पर्रीकरांच्या उगडासाक ओपली आर्गां</u>

ता. 13 डिसेंबर 2024

आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी आदले गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती दिसा आयज मिरामार हांगाच्या तांच्या स्मृती स्थळार जाल्ल्या कार्यक्रमात तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कायदो आनी न्याय मंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा, उदकास्त्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर आनी हेर मानेस्तां सयत स्मृती स्थळार फुलां अर्पण करून सर्गेस्त मनोहर पर्रीकराच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या फोटो प्रदर्शनाचेय उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें, गोंयचे लोक सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांचो सदाच उगडास दवरतले. ते एक दूरद्दश्टीचे व्हड फुडारी आशिल्लें. गोंय हे विकसीत राज्य करपाची तांणी सपना पळयली. तांणी गोंयच्या कल्याणाखातीर समर्पितपणान काम करून गोंयांक उदरगतीच्या मळार उचेल्या पांवड्यार पावयले. सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांणी सुरू केल्ले विकास प्रकल्प पुर्ण करून सरकारान सानसुविधांनी वाड केल्ली आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

हेडगेवार हायस्कुलच्या विद्यार्थ्यांनी सर्गेस्त मनोहर पर्रीकरांच्या जीणेचेर पथनाट्य सादर केले.

ह्या कार्यक्रमाक श्री. उत्पल पर्रिकर आनी सरकारी अधिकारी आनी कर्मचारी हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/696

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.